Panaji National 27th March 2025 8.40am

- कोळसो मंत्रालय आज नवी दिल्लींत वेपारी कोळसो खणीच्या लिलावाचो बारावो टप्पो करतले सुरू.
- संसदेन बँकींग कायदे विधेयक केले संमत, नामांकनाचो पर्याय एका वेल्यान चार मेरेन वाडयलो.
- कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्रालय MCA आयज प्रधानमंत्री इंटर्नशिप येवजणेच्या उमेदवारांक व्हर्च्युअल ओपन हाऊस घडोवन हाडटलें.
- देशातल्या प्रत्येक जिल्ह्यात विवाहपूर्व समुपदेशन केंद्र उघडतले अशे राष्ट्रीय महिला आयोगान म्हळां.
- खेलो इंडिया पॅरा गेम्स २०२५ चो आज सांजवेळा जातलो समारोप.

Coal – 70

कोळसो मंत्रालय आज नवी दिल्लींत वेपारी कोळसो खणीच्या लिलावाचो बारावो टप्पो सुरू करतले. लिलावाखातीर गीयो केल्ल्या खणींमदीं 13 कोळसो खणी पुरायपणान उत्खनन केल्ल्यो आसात, जाल्यार अंशतः उत्खनन केलल्यो 12 खणी आसात, जाका लागून तात्काळ आनी फुडाराच्या दोनूय उदरगती खातीर संद मेळटा. व्यावसायिक कोळसो खणींच्या लिलावाच्या 12 व्या टप्प्याक देशांतर्गत आणि आंतरराष्ट्रीय गुंतवणूकदारांचो उत्तम प्रतिसाद मेळपाची अपेक्षा आसा, जाका लागून उर्जा आनी उद्देगीक विकासात स्वयंपूर्णतेखातीर भारताची वचनबद्धताय आनीकूय घटमूट जातली.

Banking – 90

संसदेन बँकींग कायदे दुरुस्ती विधेयक 2024 संमत केला.ताका काल राज्यसभेत मान्यताय मेळ्ळी. लोकसभेन हें विधेयक पयलींच संमत केलां. ह्या विधेयकांत भारतीय रिझर्व्ह बँक कायदो, १९३४, बँकींग नियमन कायदो, १९४९, भारतीय राज्य बँक कायदो, १९५५, बँकींग कंपनी (उपक्रमांचें संपादन आनी हस्तांतरण) कायदो,

१९७० आनी बँकींग कंपनी (उपक्रमांचें संपादन आनी हस्तांतरण) कायदो, १९८० हातूंत दुरुस्ती करपाची तरतूद आसा. या विधेयकाचो उद्देश बँक खात्यात नामांकित व्यक्तींखातीर पर्यायांची संख्या सध्याच्या एकावरून चार करप हो आसा.

देशांत बँकींग क्षेत्र घटमूट करपा खातीर सरकारान जायत्यो सुदारणा केल्यात अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें.

MCA – 50

कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्रालय MCA आयज प्रधानमंत्री इंटर्नशिप येवजणेच्या उमेदवारांक व्हर्च्युअल ओपन हाऊस घडोवन हाडटलें. एमसीएचे वरिष्ठ अधिकारी, धोरण आणि प्रक्रियात्मक बाबीं खातीर  प्रकल्प व्यवस्थापन पथक आणि तांत्रिक तज्ञांचो आसपाव आशिल्ले तज्ञांचे एक पॅनेल अर्जदारांच्या प्रश्नांच्यो जापो दितले. सप्तकी जावपी हे in house अर्ज प्रक्रियेंत वांटो घेवपी उमेदवारांखातीर  म्हत्वाचो उपक्रम म्हणून काम करतात.

NCW – 75

राष्ट्रीय महिला आयोगान (NCW) देशातल्या  प्रत्येक जिल्ह्यात विवाहपूर्व समुपदेशन केंद्र उघडतले अशे म्हळां. पाटणांत मिडियां कडेन उलयतना एनसीडब्ल्यूच्यो अध्यक्ष विजय राहतकार हांणी सांगलें, अंदू आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा सुरू केल्ल्या आयोगाचो हो नवो उपक्रम. आतां मेरेन 11 राज्यांनी अशीं 23 केंद्रां उक्तीं जाल्यांत अशें तांणी सांगलें. अध्यक्षान सांगलें, सरकारी जाग्याचेर हीं समुपदेशन केंद्रां उक्तीं जातलीं आनी जिल्लो वा नगरपालिका संस्थांच्या देखरेखी खाला ती चलयतले. ही विवाहपूर्व केंद्रे लग्न करपी जोडप्यांक मदत करतली अशे राहटकर हाणी सांगले.

Bihar NDA – 90

बिहारांतल्या एनडीए खासदारानी काल दिल्लींत भाजपा खासदार संजय जयसवाल हांच्या निवासस्थानी रातच्या जेवणा वेळार बसका घेतली. हे बसकेंत भाजपा अध्यक्ष जे पी नड्डा, जनता दल युनायटेड, लोजपा- रामविलास, हिंदुस्तान आवाम

मोर्चा - सेक्युलर आनी राष्ट्रीय लोक मोर्चा हांचे वरिश्ठ फुडारी तशेंच बिहारांतले भाजपाचे खासदार हाजीर आशिल्ले. अंदु वर्साच्या अखेरेक बिहारांत जावपा आशिल्ल्या विधानसभा वेंचणूक पयलीं आघाडीतल्या भागीदारांमंदी समन्वय आनीक सुदारप हो हे बसकेचो हेत आशिल्लो. उपरांत सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत केंद्रीय मंत्री  चिराग पासवान हांणी सांगलें, येत त्या  बिहार विधानसभा वेंचणुके खातीर रणनितीचेर बसके वेळार चर्चा जाली.

BJP Gen Sec – 30

भारतीय जनता पक्षाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हांणी काल नवी दिल्लींत पक्षाच्या सरचिटणीसां कडेन बसका घेतली. भाजपाचे सरचिटणीस विनोद तावडे, तरुण चुघ, अरुण सिंग आनी हेर हे बसकेक हाजीर आशिल्ले.

BJP Goa – 45

गोयचे भाजपा प्रदेश अध्यक्ष दामू  नायक हांणी काल  नवी दिल्लीत संसदेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेवन गोंयांतल्या राजकी घडामोडी आनी उदरगतीच्या कामां विशीं भासाभास केली. गोयाक केंद्र सरकाराचो पुराय तेंको मेळटलो अशें आश्वासन प्रधानमंत्री मोदी हाणी दिल्ल्याचे  नायक हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टात म्हळां.

Navy DRDO – 60

संरक्षण संशोधन आनी उदरगत संघटना - डीआरडीओ आनी भारतीय नौदलान काल ओडिशाच्या चंडीपूर हांगाच्या एकत्रीत चांचणी रेंजांतल्यान स्वदेशी रित्या विकसीत केल्ल्या वर्टिकल-लॉन्च्ड शॉर्ट-रेंज सरफेस-टू-एयर मिसाइलची यशस्वी चांचणी केली. ही चाचणी एक भूमि-आधारित वर्टिकल लॉन्चर वरवीं सामकया लागिच्यांनआणि कमी उंचायेचेर आशिल्ल्या हाय-स्पीड हवाई लक्ष्याचेर निशानो साधून केली. हाका लागून क्षेपणास्त्र प्रणालीची लागिच्यांन -कमी उंचायेचेर मारो करपाची क्षमता स्थापित जाली.

Goa Budget - 40

गोयचे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी काल विधानसभेत सेगीत सातवे फावट अर्थसंकल्प सादर केलो. मुखेलमंत्र्यांनी काल सुमार 27 हजार 993 कोटींचो अर्थसंकल्प सादर केलो.फाटल्या वर्साच्या तुळेन तो १३.२७ टक्के चड आसा. हिंदी कविता सादर करुन मुखेलमंत्र्यांनी कोंकणीतल्यान हया अर्थसंकल्पीय भाशणाक सुरुवात केली.

(Byte)

LS Fake news – 105

केंद्र सरकाराच्या फॅक्ट चेक युनिटान फाटल्या तीन वर्सांत एक हजार 500 परस चड फेक न्यूज वळखून घेतल्यात. लोकसभेंत एका प्रस्नाक दिल्ल्या लेखी जापेत म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, 72 हजारां परस चड प्रस्न आयल्यात. तांणी सांगलें, प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोचो फॅक्ट चेक युनिट, फॅक्ट चेक केल्ली आनी सारकी म्हायती आपल्या सोशल मिडिया हँडलाचेर घालता. सरकारा संबंदीत फेक न्यूज आनी चुकीच्या म्हायतीचो प्रसार आडावपाच्या हेतान 2019 वर्सा फॅक्ट चेक युनिट स्थापन केल्लो अशें तांणी सांगलें. वैष्णव हाणी माहिती दिली की लोक सरकारा कडेन संबंधित बातम्यांबाबत तांच्यो तक्रारी आणि तथ्य तपासणी विनंती व्हॉट्सअॅप हॉटलाइन - 8799711259 आणि पीआयबी फॅक्ट चेक युनिटच्या संकेतथळा वरवीं धाडूंक शकतात.

IMD – 55

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज जम्मू काश्मिरात उटनगराचो पावस आणि बर्फवृष्टीचो अदमास उक्तायल्या. तशेंच आयज हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, आनी पंजाबांतल्या कांय वाठारांनी गडगडाटा संयत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. आयज लद्दाख, गिलगित-बाल्तिस्तान-मुझफ्फराबाद, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय

आसा. फाल्यां आनी शेनवारा अरुणाचल प्रदेशात  उटनगराचो  पावस पडपाचोय अदमास आयएमडीन उक्तायला.

Khelo India – 50

खेलो इंडिया पॅरा गेम्स २०२५ चा समारोप आज सांजवेळा भव्य सुवाळ्यान जातलो. हाचे आयोजन भारतिय  खेळां प्राधिकरण  करतले आनी तातूंत युवा वेव्हार आनी खेळां राज्यमंत्री रक्षा निखिल खडसेय वांटो घेतली. खेळो इंडिया मिशनाच्या खाला मुखेल उपक्रम म्हूण पॅरा गेम्सान प्रतिभावान खेळगड्यांक आपली कुशळटाय दाखोवपा खातीर एक म्हत्वाचो मंच दिला.

आयपीएल - ६०

आयपीएल टी-२० क्रिकेटसर्तीत काल रात्री गुवाहाटीत जाल्ल्या खेळात कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान राजस्थान रॉयल्स पंगडाक ८ गड्यांनी हारयले.

आयज हैदराबादेत सनरायझर्स हैदराबाद लखनऊ सुपर जायंटस आड जातलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरू जातलो.